२८-०१ -२०२५

सकाळी: ७.२५

प्रादेशिक खबरो

Dip 200

लोकशाय वेवस्थेत जनताच सर्वश्रेश्ठ आसता. लोकशाय वेवस्थेचो फुडार लोकांच्या हातांत आसता. जनता आपल्या फुडाराचो स्वता निर्णय घेता आनी आपलो प्रतिनिधी निवडून हाडटात, अशें गोंयचे राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी म्हळा. मुखेल वेंचणूक अधिकारी कार्यालयान , एनआयओ दोनापावला हांगा आयोजीत केल्ल्या 15 व्या राष्ट्रीय मतदांर दीस कार्यावळीत ते उलयताले. स्वताचे संविधान तयार करपा वांगडाच लोकशाय संसदीय वेवस्था अमलात हाडली आनी भारत सार्वभौम आनी लोकशाय राष्ट्र जाले. ते उपरांत देशान खुपशो वेंचणूको यसस्वी केल्यो, आयज भारत संवसारांतली व्हड लोकशाय वेवस्था आसा, अशें तांणी सांगलें.

वेंचणूक प्रक्रियेत नागरिकांचो आस्पाव वाडोवपा खातीर भारतीय वेंचणूक आयोगाचे प्रयत्न आसता. नागरिकांचे मतदान हक्क आनी वेंचणूक प्रक्रियेविशीं जागृताय करपा खातीर आयोगा वतीन खुपश्यो कार्यावळी आयोजीत करतात. वेंचणूक प्रक्रियेतलो नागरिकांचो आस्पाव आनी संबंदीत यंत्रणांच्या प्रयत्नांक लागून आयज आमची लोकशाय घटमूट जाल्या, अशें राज्यपालानी सांगलें.

मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू हांणीय आपल्या उलोवपात मुक्त आनी न्याय्य वातावरणात वेंचणूक प्रक्रिया पुर्ण करपा खातीर वेंचणूक आयोगा कडल्यान जावपी प्रयत्नांची तोखणाय केली.

उत्तर गोंय जिल्होधिकारी डॉ. स्नेहा गीते, सहाय्यक जिल्हाधिकारी पल्लवी मिश्रा, राज्य वेंचणूक आयुक्त दौलत हवालदार, उपजिल्हाधिकारी मयंक च्यारी, डीआरडीए प्रकल्प संचालक दिपाली नाईक आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

Ganesh 125

गोंय विद्यापिठाचे कुलसचीव म्हणून डॉ. सुंदर नारायण धुरी हांची नेमणूक केल्या. ह्या पदाची पुराय प्रक्रिया जाले उपरांत राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणीय डॉ. धुरीच्या नांवाक पसंती दिल्ली. आयज ताची अधिकृतपणान घोशणा केल्या. डॉ. धुरी हे सत्तरीचे पूत जावन आसा.

कुलसचीव पदावेल्यान आपणाक मुक्त करचे अशी मागणी प्रा. व्ही. एस नाडकर्णी हांणी गोंय विद्यापिठां कडेन केल्ली. पूण नव्या कुलसचीवाची नेमणूक जाय मेरेन तांकांच तें पद सांबाळपाक सांगलें. ह्या पदाची जायरात विद्यापिठान 15 नोव्हेंबर 2024 दिसा दिल्ली. 16 डिसेंबर 2024 मेरेन अर्ज मागयल्ले. जायत्या जाणांनी अर्ज केल्ले. छाननी प्रक्रियेंतल्यान आयिल्ल्या नांवांतल्यान डॉ. धुरी हांची निमाणी निवड केली. कुलगुरू हरिलाल मेनन हांच्या फुडारपणा खाला आशिल्ले समितीन ही निवड केल्या. कुलपती ह्या नात्यान राज्यपालानय ताका मान्यताय दिली. ह्या पदाची मुजत सुरवेक 5 वर्सां खातीर आसता, तातूंत वाड जावपाची शक्यताय आसा.

DIP 60

भारताच्या स्वातंत्र्या खातीर जांणी आपल्या जीणेचो त्याग केलो तांच्या उगडासाक ता. 30 जानेवारीक सकाळी 10.40 वरांचेर पणजेच्या आझाद मैदाना वयल्या हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पांजली ओपतले. राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, गोंय विधानसभेचे सभापती रमेश तवडकर आनी हेर मानेस्त हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र दवरून हुतात्म्यांक आर्गां ओपतले. गृह खात्यान सगळ्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आनी नगरिकांक कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाची विनंती केल्या.

Dip 65

गोंयचे राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी जेष्ठ स्वातंत्र्यसैनिक लिबीया लोबो सरदेसाय हांच्या पणजेतल्या घरा भेट दिवन तांकां पद्मश्री पुरस्कार फावो

जाल्ल्या बद्दल तांचे अभिनंदन केले. गोंयच्या मुक्ती चळवळींत सहभागी जावपाचे धाडस केल्ले खातीर राज्यपालान सरदेसाय हांची तोखणाय केली. कठीण प्रसंगाक तोंड दिवन सरदेसाय हांणी गोंय मुक्ती खातीर योगदान दिले, अशें राज्यपालान म्हणले. लिबीया लोबो सरदेसाय हांणी आपल्या घरा भेट दिवन आपले अभिनंदन केल्ले खातीर राज्यपालांचे उपकार मानले.

Subhash 65

उच्च शिक्षण संचालनालवान घडोवन हाडिल्ल्या विज्ञानधारा २०२५ ह्या कार्यावळीखाला राज्यातल्या साबार शाळांनी व्याख्यानमाळ सुरू जाल्या. माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांक विज्ञान विषयाकडे आकर्शित करपाच्या हेतान ही व्याख्यान कार्यावळ दर वर्सा आयोजीत करतात. राष्ट्रीय शिक्षण धोरणा प्रमाण बहुशाखीय शिक्षणाचो विस्तार करपाची मोख पुराय करपाक ही व्याख्यान माळ उपेगी थारता. राज्यभरांतल्या माध्यमिक शाळांनी विज्ञान विशयक ९५ सत्रां जातली अशी म्हायती उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या विज्ञानधारा २०२५ आयोजन समितीन दिल्या.

PIB 75

राष्ट्रीय नाटक शाळा (एनएसडी) आपलो मुखेल आंतरराष्ट्रीय नाट्य महोत्सव भारत रंग महोत्सव (बीआरएम) गोंयांत 29 जानेवारी 2025 ते 1 फेब्रुवारी 2025 मेरेन घडोवन हाडटा. नामानेचे अभिनेते आनी एनएसडीचे आदले विद्यार्थी राजपाल यादव ह्या वर्साचे रंग दूत आसतले. 29 जानेवारी 2025 दिसा सांजवेळा 6:00 वरांचेर मास्टर दीनानाथ मंगेशकर कला मंदिर, कला अकादमी, पणजी हांगा जावपी उक्तावण सुवाळ्यांत गोंयचें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत मुखेल सोयर आसतल. गोंयच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या सहकार्यान गोंयांतल्या चार दिसांच्या महोत्सवांत कला अकादेमींत चार नाटकां सादर जातलीं, तातूंत गिरीश कर्नाड हांचें ‘नागमंडल’ नाटक हें उक्तावणचें नाटक आसतलें.